# मुख्यमंत्र्यांकडल्यान गोंय क्रांती दिसाची परबीं

ता. 17 जून 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार गोंयच्या जनतेक परबीं दिल्या. मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, "गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासात ह्या दिसाक खास म्हत्त्व आसा. 18 जून 1946 दिसा डॉ. राम मनोहर लोहिया आनी डॉ. ज्युलियो मिनेझिस हांणी पोर्तुगीजांच्या जुलमी सत्तेआड निर्भयपणान भाशण करून पोर्तुगीजांच्या सत्तेआड लडपाक गोंयच्या लोकांचे धैर्य वाडयले. डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी मडगांव हांगा पेटयिल्ल्या ह्या किटीचे रूपांतर गोंयकारांच्या काळजात व्हड ज्वाळेत जाले. निमाणे हजारांनी गोंयकार एकटाय येवन हुकूमशाय राजवटीक विरोध केलो आनी 450 वर्सांच्या पोर्तुगीज राजवटीतल्यान 19 डिसेंबर 1961 दिसा गोंय मुक्त जालें.

मुख्यमंत्री फुडें म्हणटा, "गोंय क्रांती दीस हो मुक्ती चळवळीचो निमाणो टप्पो आशिल्लो, जातूंत हजारांनी गोंयकारांनी स्वता जावन वाटो घेतलो. गोंय मुक्ती चळवळीच्या काळांत अनेक स्वातंत्र्य सैनिक हुतात्मे जाले जाल्यार अनेकांक छळ, तुरुंगवास आनी हद्दपारीची ख्यास्त भोगची पडली.

गोंयकारांच्या मुक्ती चळवळीच्या उगडासाक हो इतिहासीक दीस 'क्रांती दीस' म्हूण मनयतात. स्वातंत्र्यसैनिकांच्या योगदानाचे आनी त्यागाचो उगडास करून आमी सगळ्यांनी ह्या वेळार सगळें हुतात्मे, स्वातंत्र्य सैनिकांक नमन करूया. ह्या म्हान आत्म्यांच्या त्यागाक लागून आयज गोंय एक समृद्ध कल्याणकारी राज्य म्हूण पावलां मारता.

आमी सगळ्यांनी आयच्या ह्या प्रसंगार गोंयांक आदर्श राज्य करपाखातीर आनी व्हडा कष्टांनी मेळयिल्ल्या स्वातंत्र्याचे रक्षण करपाखातीर स्वता समर्पित जावया. ह्या प्रसंगार हांव स्वातंत्र्यसैनिकांक विनम्र अभिवादन करता आनी आर्गां ओपता, अशें मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात निमाणे म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/421

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji